# "लोकशाय उत्सव"- गोंयांत राष्ट्रीय संसद परिशदेचे आयोजन

ता. 28 ऑक्टोबर 2021

गोंय मुक्तिच्या ६० व्या वर्सानिमतान राज्य सरकारावतीन अनेक कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येता. ताचोच एक भाग म्हूण सरकारान गोंयांत डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी इनडोअर स्टेडियमात ता. 08 ते 12 नोव्हेंबर 2021 ह्या काळात राष्ट्रीय संसद परिशदेचे आयोजन केला.

गोंयचे मुख्यमंत्री ह्या परिशदेचे मुखेल आश्रयदाते आसात. गोंय विधानसभेचे सभापती श्री राजेश पाटणेकर अध्यक्ष जाल्यार श्री राहुल कराड हे निमंत्रक आसात.

राष्ट्रीय संसद परिशदेत 8 आनी 9 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय बायलां संसद, 10 आनी 11 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय युवा संसद आनी 12 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय पंचायत संसद सत्र जातले. राष्ट्रीय बायलां संसद सत्रात बायलांच्या सक्षमीकरणातली सामाजीक-राजकीय आव्हानां, बायलांची परिस्थिती आनी निर्णय घेवपाची तांक, कॉर्पोरेट संकेतानी आनी तत्वांनी बायलो, बायलांखातीर नवीन क्षेत्रां, राजकारणात बायलो, राखीवता, कार्य आनी फुडार आनी बचत गट- हेतू, वास्तव, फुडाराखातीर रोडमॅप अशां विशयांचो आस्पाव आसा. राष्ट्रीय युवा संसदेत लोकशायेत युवा संसद, सामाजीक कार्याखातीर सोशल नेटवर्किंग, राजकीय नेतृत्व – युवा भारताक कित्ये जाय?, संस्कृती आनी संविधाना वरवीं राष्ट्रीय एकात्मता आनी नवीन जग, नवीन शिक्षण अशां विशयांचो आस्पाव आसा आनी राष्ट्रीय पंचायत संसदेत आदर्श गांव, नेतृत्व आनी सहभाग, आत्मनिर्भर/स्वयंपूर्ण पंचायत, ग्रामीण अर्थवेवस्था: शेती, खण वेवसाय, पर्यटन अशां विशयांचो आस्पाव आसा.

लोकशाय उत्सवाच्या परिशदांक बरो प्रतिसाद मेळत आसा. राष्ट्रीय फुडारी, विद्वान शिक्षणतज्ज्ञ, विचारवंत, उद्देजक, परोपकारी, सामाजीक

कार्यकर्ते, नामनेचे वक्ते आनी विंगड विंगड क्षेत्रातले अनेक मानेस्त संमेलनांक उपस्थित रावतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/899

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji